# <u>धावेच्या परिक्षेत सरकारी हायस्कूलांचो निकाल उत्कृष्ट</u>

ता. 07 जून 2018
17 जेष्ठ 1940

गोंय शालांत मंडळान अंदू घेतिल्ले धावेंच्या परिक्षेत राज्यातल्या 78 मदल्या 22 सरकारी हायस्कूलांचो निकाल शंभर प्रतिशे लागला.  ही हायस्कूला चडशी ग्रामीण वाठारांतली आसा.  2018 च्या हया निकालान प्रयत्न केल्यार कसलीच गजाल अशक्य ना हे दाखोवन दिला.

शंभर प्रतिशे निकाल लागिल्ल्या सरकारी हायस्कूलातल्या शिक्षणाचो दर्जो बरोच वाडला. तशेंच 40 हायस्कूलांचो निकाल 80 ते 90 प्रतिशे लागला देखून आयज लोकांच्या सरकारी हायस्कूलाकडेन पळोवपाच्या दृश्टीकोनात बदल जावपाक हया शाळांची भुमिका म्हत्वाची आसा.

हया निकालातल्यान विद्यार्थ्यावांगडाच शिक्षक वर्गान घेतलेले कश्ट आनी प्रयत्न दिसून येता.  खंयचेय बाबतीत सकारात्मक भावना आसल्यार बरो निकाल लागता.  तशेंच हया सरकारान सुरू केल्ल्यो वेगवेगळयो येवजणो, सुविधां आनी शिक्षकांच्या समर्पित कर्तव्याचेय योगदान म्हत्वाचे आसा.

उत्तर गोंयात आगरवाडा-पेडणे, दोनापावला तिसवाडी, नानोडा बार्देस, मुळगांव, आमोणा, सुर्ला, वाळपय, दक्षिण गोंयात आगोंद, गांवडोंगरी, सादोळशे, खोतीगांव, सावईवेरे, कुंडय, गांजे-उजगांव, जुना बाजार-फोंडा, नेतूर्ली-सांगे, दयानंदनगर सांगे, कुंभारजुवा हांगाच्या सरकारी हायस्कूलाचे निकाल शंभर प्रतिशे लागला.

गोंय सरकारान फाटली अनेक वर्सासावन दर्जेदार शिक्षणाची गरज लक्षात घेवन शिक्षण सुविधा वाडोवपा वांगडाच शिक्षकांची भुरग्यांक शिकोवपाची कुशळताय वाडोवपाखातीर प्रयत्न केल्यात.  शिक्षण खात्यान प्रशासकीय सुदारणा वांगडाच शिक्षण धोरणांची अंमलबजावणी यशस्वीपणान केल्या.  सरकारी हायस्कूलातल्या शिक्षणाच्या दर्जात मोठी सुदारणा जाल्ली आसून अंदूच्या निकालान सरकारी शाळांकडेन पळोवपाचो पालकांचो दृश्टीकोन नक्कीच बदलतलो.